**<u>15 नोव्हेंबराक बिरसा मुंडा जयंती कार्यक्रम</u>**

ता. 10 नोव्हेंबर 2022

गोंय एससी/एसटी आयोगावतीन ता. 15 नोव्हेंबर 2022 दिसा गोमंत विद्या निकेतन , मडगांव हांगा राष्ट्रीय आदिवासी फुडारी बिरसा मुंडा हांची जयंती मनोवपात येतली. सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.00 मेरेन कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येतले.

कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभापती श्री. रमेश तवडकर, खेळ आनी युवा वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

ह्या कार्यक्रमात वेगवेगळया मळावयल्या उत्कृश्ट योगदानाखातीर एससी/एसटी समाजातल्या 5 बायलांचो सन्मान करपात येतलो.

कार्यक्रमात मानसविकृतीशास्त्र आनी मानवी वर्तवणूक संस्थेचे असिस्टंट प्रोफेसर श्री. सुदेश नंदा गावडे एससी/एसटी राखिवतेचेर बढतीच्यो संदी ह्या विशयाचेर जाल्यार उदकास्त्रोत खात्याचे प्रशासकीय संचालक श्री. शंकर बी. गावकर हे एससी/एसटी समाजाची मालमत्ता/जमनीचो बेकायदेशीर वेव्हार ह्या विशयाचेर उलयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/697

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji